Akashwani Panaji 18th April 2026 National news 8.40 am

* तमिळनाडूंतल्या कोयंबटतूर जिल्ह्यांत जाल्ल्या रस्तो अपघातांत राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू, उप्राष्ट्रपती सी पी राधाकृष्णन आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी दुख्ख उक्तायलां.

* भारतान अधिकृतपणान पुष्टी केल्या की युनायटेड किंगडम आनी फ्रांसाच्या फुडारपणा खाला होर्मुझ खाडीची राखण करपा खातीर दर्यावेल्या उपक्रमांत वाटेकर जावपाक आपोवणे दिला.

* केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांच्या फुडारपणा खाला भारत आनी ऑस्ट्रिया हांचे मदले वेपार आनी गुंतवणूक संबंद घटमूट करपाची संद मेळ्ळी.

* वेपार आनी गुंतवणूक हांचेविशीं भारत-नॉर्वे संवादाचें तिसरें अधिवेशन नवी दिल्लींत जालें.

Aata puray khabro

Pm 67

नामांकीत वांगडी हरिवंश, सलग तिसरे खेपे राज्यसभेचे उपसभापति म्हणून वेंचून आयल्यात. ते बिनविरोध वेंचून आयल्यात . राज्यसभेंच्या सभाघराचे फुडारी जे.पी.नड्डा हांणी हरिवंश हांका वयल्या सभाघराचे उपसभापति म्हणून वेंचून काडपाचो प्रस्ताव मांडलो. भारताचे आदले मुखेल न्यायाधीश रंजन गोगोय हांच्या निवृत्ती उपरांत राष्ट्रापती द्रौपदी मुर्मू हाणी तांकां सभाघरांत उमेदवारी दिली. ह्या संदरबंत उलाय्ताना प्रधान्मान्त्र्यानी म्हणले कि byte

Pm 64

तमिळनाडूंतल्या कोयंबटतूर जिल्ह्यांत जाल्ल्या रस्तो अपघातांत राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू, उप्राष्ट्रपती सी पी राधाकृष्णन आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी दुख्ख उक्तायलां. Valparai घाट रस्त्यार, काल सांजवेळार हो अपघात जालो. केरळांतल्यान 16 जाणांक व्हरपी व्हॅन दोंगरी रस्त्यार वता आसतना कोयंबटतूर जिल्ह्यांत दोंगरा सकयल गाडी कोसळली . धा जाणांक मरण आयलें आनी जायते जाण जखमी जाले. जखमींक उपचारा खातीर लागसारच्या हॉस्पिटलांत दाखल केल्यात.

India 136

भारतान अधिकृतपणान पुष्टी केल्या की युनायटेड किंगडम आनी फ्रांसाच्या फुडारपणा खाला होर्मुझ खाडीची राखण करपा खातीर दर्यावेल्या उपक्रमांत वाटेकर जावपाक आपोवणे दिला . राजधानींत सप्तकी मिडिया ब्रिफींग वेळार विदेश वेव्हार मंत्रालयाचे प्रवक्ते रणधीर जायसवाल हांणी ह्या आमंत्रणाची पुष्टी केली. संवसारांतल्या सुमार वीस टक्के तेल वेपाराक सुविधा दिवपी संवसारांतल्या एका म्हत्वाच्या उर्जा मार्गाची सुरक्षीतताय सुनिश्चीत करपाचे यत्न आंतरराष्ट्रीय समुदाय वाडयता तेन्ना हें आमंत्रण पावता. विदेश वेव्हार मंत्रालयाच्या म्हणण्या प्रमाण, रणनितीच्या मार्गांतल्यान "अखंड नेव्हिगेशन" सांबाळपाचो हेतू आशिल्ल्या सहकार्याच्या येवजणेंत नवी दिल्लीक योगदान दिवपाक सांगलां. ब्रिटीश प्रधानमंत्री केयर स्टारमर आनी फ्रेंच राष्ट्रपती इमान्युएल मॅक्रॉन हांणी एलिसी पॅलेसींत उलोवणी केली. होर्मुझ खाडीतल्या परिस्थितीचेर उपाय काडपा खातीर सुमार 40 देशांचे वांगडी आभासी शिखर परिशद घडोवन हाडपाची तयारी दोनूय फुडारी करतात. जर्मनीचे कुलगुरूFriedrich Merz हाजीर रावपाचे आसात आनी तांणी अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांचो हे प्रक्रियेंत आस्पाव करचो अशें सुचयलां.

Aus 160

केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांच्या फुडारपणा खाला भारत आनी ऑस्ट्रिया हांचे मदले वेपार आनी गुंतवणूक संबंद घटमूट करपाची संद

मेळ्ळी. ऑस्ट्रियाचो अर्थ, उर्जा आनी पर्यटन संघराज्य मंत्री Wolfgang Hattmanns-dorfer, हेय वाटेकर जाल्ले . गोयल हाणी द्विपक्षीय वेपार वाडोवप, कामगार प्रधान क्षेत्रांचो फायदो घेवप आनी वेवसायत सतत वांटो घेवपा खातीर भर दिलो. तशेंच सुदारणा, आनी प्रगत तंत्रगिन्यानह्या मुखेल चालकांचेर तांणी भर दिलो. दोनूय देशां मदलो द्विपक्षीय वेपार सुमार 3 अब्ज अमेरिकन डॉलर मेरेन पावला आनी भारतांत सुमार 160 ऑस्ट्रियन कंपनीं काम करतात . गुंतवणूक सुलभ करपा खातीर, आनी वेवसाय करपाची सोय वाडोवपा खातीर द्विपक्षीय फास्ट-ट्रॅक यंत्रणा कार्यान्वीत करप हो एक मुखेल परिणाम आसा अशें वाणिज्य आनी उद्देग मंत्रालयान सांगलां.हाका लागून गुंतवणूकदारांचे आत्मविस्वासाक बळगें मेळटलें. ह्या चर्चेंत वेपार वाडोवपाक, आडमेळीं उणी करपाक आनी गुंतवणूक प्रवाह वाडोवपाक मुखेल चालक म्हूण प्रस्तावीत भारत-युरोपीय संघ मुक्त वेपार कराराचेर भर दिला.

आकाशवाणी पणजी- 104

आकाशवाणी पणजी केंद्रान 'कॅज्युअल असाइनीज', न्यूज रीडर-कम-ट्रान्सलेटर ह्या वर्गवारीत तात्पुरत्या कराराचेर एम्पॅनलमेंट खातीर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात.

तेखातीर पात्रताय आनी अटी अशो आसात :

उमेदवार पदवीधर आसप गरजेचें. ताची पीराय 21 ते 50 वर्सां मजगतीं आसची. कोंकणी भाशेचें बरें गिन्यान आसचें तशेंच इंग्लीश-कोंकणी आनी कोंकणी-इंग्लीश अणकार करपाचें कसब आसचें. प्रसारणाखातीर उमेदवाराचो आवाज योग्य आसपाक जाय. इत्सूक उमेदवारांनी थारायल्ली फी भरून ताची पावती जोडून आपलो अर्ज 'हेड ऑफ आरएनयू, आकाशवाणी पणजी, आल्तिन्हो, पणजी , गोवा - 403001 हांगा सादर करचो. निवड प्रक्रिया लेखी परीक्षा आनी मुलाखत अशा

दोन पांवड्यार जातली. अर्ज करपाक निमणी तारीख आसा 17 मे 2026 आसा. अधिक म्हायती खातीर rnuairpanaji[at]gmail[dot]com ह्या ई-मेलाचेर संपर्क करचो.

**एल पी जी**

अस्तंत आशियांत संघर्षा चालू असलो तरीय देशभरांतल्या एलपीजीची पुरवण स्थीर आसा अशें सरकारान सांगलें. नवी दिल्लींत आंतर मंत्रालयीन म्हायती दितना पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयांतली सचीव सुजाता शर्मा हांणी सांगलें, एलपीजीची पुरवण स्थीर आसा, काल मेरेन सुमार 50 लाख एलपीजी सिलिंडर लोकांक पावल्यात अशें तिणें नदरेक हाडलें. आतां सुमार 98 टक्के एलपीजी बुकींग ऑनलायन जाता, जाल्यार 93 टक्के डिलिव्हरी प्रमाणीकरण कोड यंत्रणे वरवीं म्हल्यार otp प्रमाणीत जाता अशें शर्मा हांणी सांगलें. Byte

Navy 102

नौदल commanderपरिशद 2026 च्या पयल्या पान्व्द्याचे नवी दिल्लींत, काल समापन जाले. चार दिसांची ही परिशद भारतीय नौदलाच्या कार्यकारीची तयारी, मुळावी बांदावळ, रसद, आनी मनीस संसाधन उपक्रमांचो व्यापक नियाळ घेवपा खातीर एक मुखेल माची म्हूण वावुरता अशें संरक्षण मंत्रालयान सांगलें. तशेंच अस्तंत आशियांत चालू आशिल्ल्या संघर्शाच्या फाटभुंयेर प्रचलित कार्यकारी वातावरणाचें मुल्यांकन केलें. परिशदे वेळार भारतीय नौदलाची दर्यावेल्या सुरक्षा रणनितीची म्हायती नौदलाचे मुखेल एडमिरल दिनेश कुमार त्रिपाठी हांणी जाहीर केली. परिशदेच्या फाटभुयेर एडमिरल त्रिपाठीन ‘सागर मंथन’ची येजमानकी सांबाळी आनी संरक्षण, संशोधन आनी विकासांत सुदारणा करपा विशीं, आनी उद्देगाच्या सहभागांतल्यान क्षमता विकास वाडोवपा विशीं नौदलाच्या वरिश्ठ फुडारी आनी विशय तज्ञां मदीं चर्चा करपाक सुविधा मेळ्ळी अशे सांगले.

Norway 160

वेपार आनी गुंतवणूक हांचेविशीं भारत-नॉर्वे संवादाचें  तिसरें अधिवेशन नवी दिल्लींत जालें. संवादाचे सहअध्यक्षपण, वाणिज्य खात्याचे संयुक्त सचीव, वाणिज्य आनी उद्देग मंत्रालय मोहित यादव आनी वेपार मंत्रालयाच्या वेपार धोरण खात्याचे महासंचालक नीना क्रिस्टीन रोर हांणी केलें.संवादांत भारत आनी नॉर्वे हांणी संव्सारीक आनी देशी अर्थीक  नियाळ घेतलो, तातूंत लवचीक पुरवण साखळी, उर्जा सुरक्षा, हवामान संक्रमण आनी घटमूट वेपार आनी गुंतवणूक हांची गरज नोंद केली. वेपारांत विविधताय हाडपाचे यत्न आनी परस्पर फायदेशीर वेवसायीक उपक्रमांक चालना दिवपाचे दोनूय वटांनी मान्य केलें.तशेंच दोनूय राश्ट्रांनी भारत-ईएफटीए टेपा खाला आपलीं वचनबद्धतायेची पुष्टी केली.तांणी टेपा खातीर संबंदीत विशिश्ट प्रस्नांचो आढावो घेतलो, तातूंत दर उणो करपाचे फायदे आनी वेपार आनी गुंतवणूक आडमेळीं सोडोवपाची गरज हांचो आस्पाव आसा.

sports

ipl क्रिकेट सर्तींत आयज बेंगळुरूच्या एम.चिन्नास्वामी स्टेडियमाचेर रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू आनी दिल्ली कॅपिटल्स हांचे मदीं  3:30 वरांचेर  मॅच सुरू जातली.

Imd

भारतीय हवामान खात्यान आयज मध्य प्रदेश, छत्तीसगड, महाराष्ट्र, ओडिशा, रायलासीमा आनी तेलंगना ह्या राज्यांनी उश्णतायेची ल्हारां पाताल्पचो अदमास उक्तायला.

Partun ek favt aycho Mukhel khabro

* तमिळनाडूंतल्या कोयंबटतूर जिल्ह्यांत जाल्ल्या रस्तो अपघातांत राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू, उप्राष्ट्रपती सी पी राधाकृष्णन आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी दुख्ख उक्तायलां.

* भारतान अधिकृतपणान पुष्टी केल्या की युनायटेड किंगडम आनी फ्रांसाच्या फुडारपणा खाला होर्मुझ खाडीची राखण करपा खातीर दर्यावेल्या उपक्रमांत वाटेकर जावपाक आपोवणे दिला.

* केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांच्या फुडारपणा खाला भारत आनी ऑस्ट्रिया हांचे मदले वेपार आनी गुंतवणूक संबंद घटमूट करपाची संद मेळ्ळी.

* वेपार आनी गुंतवणूक हांचेविशीं भारत-नॉर्वे संवादाचें तिसरें अधिवेशन नवी दिल्लींत जालें.

Ani itlyna hyo rashtriy khabro soplyomukhavele rashtriy Khabra patr ttumka aayj sanje 6 vra 30 minitani aykunk meltale namaskar .